२६-११-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**कामगार कायदे**

केंद्र सरकारान जे नवे कामगार कायदे लागू केल्या तांची गोयांत रोकडीच कार्यवाय जातली. सगळ्या कामगारांक योग्य ते वेतन मेळटले आनी कामगारांचे शोशण जावचे ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां.कामगारांच्या शोशणाचेर बंदी येवपा सयत सगळ्यांक किमान वेतन मेळपा खातीर केंद्रान नवे कामगार कायदे लागू केल्या. ह्या कायद्यांक हांव येवकार दिता. सगळ्यांक कामा प्रमाण समान वेतन दिवपा सयत डिजीटल पद्दतीन वेतन दिवपाक सुरवात जातली. दादलो आसू वा बायल आसू, सगळ्यांक समान वेतन मेळटले. दादलो वा बायल असो भेदभाव जावचो ना. गोंयांत कामगारांक बरो पगार मेळटा. तशेच कामगारांचे शोशण लेगीत जाय ना. हे फुडें लेगीत कामगारांचे केन्नाच शोशण जावचे ना, अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. byte

**संविधान दिस**

आयज पूराय देशात संविधान दिस मनयतात. हमारा संविधान-हमारा स्वाभिमान हो ह्या वर्साच्या उत्सवाचो विशय आसा. मुखेल कार्यावळ नवी दिल्लीच्या संविधान सदनच्या सेंट्रल हॉलांत जातली. ह्या कार्यावळीक अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू, उपराश्ट्रपतीसी पी राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, केंद्रीय मंत्री आनी संसद वांगडी हाजीर आसतले.

**तज्ञ समिती बसका**

गोंय सरकाराच्या म्हायती तंत्रज्ञान, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण खात्यान गोंय स्टार्टअप धोरणांतल्यान बियाण निधी अनुदान येवजणे खातीर 10 वी तज्ञ समितीची बसका घेतली. ह्यावेळार तज्ञ समितीन जायत्या नवनिर्माण-आदारीत क्षेत्रांतल्या सुरवातीच्या टप्प्यांतल्या उद्देगांनी सादर केल्ल्या स्टार्टअप सीड कॅपिटल अर्जांच्या नव्या फेरयेचें मुल्यांकन केलें.ह्या येवजणचो लाव घेवपाखातीर म्हायती तंत्रज्ञान, एआय/एमएल, भलायकी जतनाय तंत्रज्ञान, एडटेक, एग्रीटेक, निवळ उर्जा, नुस्तेमारी, खेळां नवनिर्माण, कोयर वेवस्थापन, वैयक्तीक वित्त, माध्यम उपाय, आनी एरोस्पेस तशेंच संरक्षण ह्या सारक्या स्टार्टअपांच्या प्रस्तावांचें मुल्यांकन ह्यावेळार समितीन केलें.गोंय स्टार्टअप धोरणांतलो एक मुखेल घटक म्हणल्यार स्टार्टअप सीड कॅपिटल येवजण, किमान कार्यक्षम

उत्पादन (एमव्हीपी) तयार केल्ल्या स्टार्टअपांक ₹10 लाख मेरेन एकदां निधी आदार दिता. ही येवजण सुरवातीच्या टप्प्यांतल्या उद्देगांक तांचीं उत्पादनां वा सेवा वाडोवंक आनी आनीक विकसीत करपाक सक्षम करता.

**vadapav**

My father invented vadapav ह्या बीबीपी स्टुडीयो वर्चियुअल भारत निर्मित लघुपटाचे स्क्रिनिंग काल इफ्फीच्या गोवा विभागावरवी जाले. वडापाव हो फकत खाणाचो जिन्नस न्ह जाल्यार तो फामाद स्ट्रीट फुड , मात वडा पाव सगळ्या मुखार कसो आयलो, तो लोकांच्या पसंतीक कसो पडलो, हाचे भोवतणी ह्या सिनेमाची काणी आसा. मुंबयच्या अशोक वैद्या हांणी 1960 वरस् स्वतचो वेवसाय करपाच्य हेतान सुरु केल्लो हो वडापाव वेवसाय आता मुंबय,तशेचं महाराश्ट्रात आनी देशातल्आ हेर भागात लेगीत बरोच फामाद जाला. मात वडापावाच्य वेवसायाफाटलो संघर्श, ताची एक आगली वेगळी काणी,वडापावाचो आयच्य काळात देसी बर्गर कसो जाला हे विंशी ह्या लघुपटाची काणी भाश्ट करता. ह्या सिनेमाचे दिग्दर्शन आनी स्क्रिनप्ले साईनाथ उसकयकार हांणी केला, जाल्यार सुरज ठाकुर आनी रोहित मोरे हांणी हाचे डीओपीचे काम केला. तशेंच नवतीका शर्मा हिणे ह्या लघुपटाचे एडीटींग केला.11 मिनटाचो हो लघुपट इग्लिश तशेंच मराठी भाशेत निर्मित केला अशी म्हायीत साईनाथ उसकयकार हांणी दिल्या. byte

हवामान

गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हयतीप्रमाण पणजे चडानचड तापमान ३३ डिग्री सेल्सियस जाल्यार उण्यातउणे तापमान २४.६ डिग्री सेल्सियस नोंद जाला. मुरगांवा चडानचड तापमान ३३.७ डिग्री सेल्सियस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २५ डिग्री सेल्सियस नोंद जाला अशें गोंय वेदशाळेन म्हळा.

लीजेंड्स लीग

येता त्या जानेवारी म्हंयन्यात गोंयात लीजंड्स प्रो टी -20 क्रिकेट सर्तीचे आयोजन जातले. ह्या सर्तीत आदले नामनेचे क्रिकेट खेळगडे शिखर धवन, हरभजन सिंग, शेन वॉटसन, डेल स्टेन वाटेकार जातले अशी म्हायती सर्तीचे आयोजकांनी दिल्या. ही सर्त 26 जानेवारी ते ४ फेब्रुवारी मजगती जातली.